13th March 2026 7.25am

Zero hour –

Skin treatment, Laser treatment तशेंच हेर तऱ्हेचे उपचार दिवपाक, काय जाण, राज्यात गाडे घालुन बसल्यात. ह्या वेवसायिकांक वैजकीय फाटंभुय ना, तशेंच Steroid क्रिम आनी वखदांचो उपेग केल्यान ताचो भलायेकेचेर परीणाम जाता. ताका लागुन अशे वेवसाय करपी, तशेचं ब्युटी पार्लरांनी अशा पध्दतीचे उपचार दिवप्यांची पळोवणी करुन, तांचेर कडक कारवाय करची, अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी शुन्य वराक केली. हे विंशी अन्न आनी वखदा प्रशासनाक पळोवणी करपाक सांगता, अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिला.

Drinking water – 150

राज्यांतल्या वट्ट 6 हजार किलोमीटर पायपलायनी मदली, 2 हजार किमी पायपलायन 40 वर्सां पोरनीं आसा. ही 276 किमी पोरनीं पायपलायन, बदलपाचें काम हातांत घेतला आनी उरिल्ली पायपलायन तीन वर्सां भितर, पावडया पांवड्याचेर बदलपाक हातात घेतले. सद्या 26% जनतेक 24 वरां उदक मेळटा, अशे पिवपाचे उदका मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगले.

सभाघरात प्रश्नोतर वरा वेळार विरोधकांनी उदका पुरवणेचो विशय नेटान लावन धरलो. तांचे प्रश्नाक जाप दितना, मंत्री फळदेसाय उलयताले. वर्स 2025-26 वर्सात 378 कोटी रुपया, इतली अर्थसंकल्पीय तरतुद जाल्ली. पुण तातूंतले 44 टक्के म्हळ्यार 210 कोटी खर्च जाल्यात. वेळा वेळार अर्थसंकल्पीय तरतुदीचो वापर जायना, असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केलो. जो मेरेन उदकाची पायाभूत सुविधा तयार जायना, ते मेरेन व्हडले वेवसायीक प्रकल्पाक, उदका जोडणी बंद दवरची, अशी मागणी आलेमाव हांणी केली. हे विशीं जाप दितना मंत्री फळदेसाय हांणी सांगले, कि

Mauvin Godinho –
टॅक्सी वेवसायात पारदर्शकता हाडपा खातीर टॅक्सीकारांक डिजीटल प्लॅटफॉर्माचेर येवचेच पडटले, अशें येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगलें. पंचायत कर्मचाऱ्यांखातीर सातवो वेतन आयोग लागू करपाची प्रक्रीया सुरू आसा. सातवो वेतन आयोग लागू जातलो, अशें पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगलें. पंचायत, येरादारी, उद्वेग खात्याच्या मागण्यांच्या चर्चेक जाप दितना तांणी ही म्हायती दिली. पंचायतींनी ऑनलायन सेवा दिवपा खातीर कंत्राटी पद्दतीचेर एके अभियंत्याची नेमणूक जातली. ६५ पंचायतींनी ऑनलायन सेवा दिवप सुरू जालां, अशें मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

Rashmi /DIP-LPG - 125

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणी आय.ओ.सी.एल, एच.पी.सी.एल आनी बी.पी.सी.एल तेल कंपन्यांचे प्रतिनिधी आनी राज्य सरकाराच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बसका घेवन, राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंच्या परिस्थितीचो  नियाळ घेतलो. ह्यावेळार राज्यात घरगुती उपेगाखातीर लागपी डोमेस्टीक  गॅस सिलिंडराचो साठो उपलब्ध आसा, अशे मुखेल सचिव हांणी ह्या कंपन्यांच्या प्रतिनिधीकडे नियाळ बसका घेतल्या उपरातं  म्हणला. मजगती, घरगुती वापराचे सिलिंडर उपलब्ध आसात, अशे मुखेलमंत्र्यांनी हेविशीं उलयतना स्पष्ट केला.

CCP – 35

पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागांखातीर मतदान जाला. अंदू 69.07 टक्के मतदान जाले. म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 69 उमेदवारां मदीं लडत जाली. आयज सकाळीं 8 वरांचेर श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर, मतमेजणी सुरू जातली.

SSC – 40

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाची धावेची परिक्षा आयज सुरू जाता ती 9 एप्रिलाक सोपतली.  परिक्षा राज्यांतल्या 32 केंद्रांचेर जातली.

दरेका दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर, परिक्षेक सुरवात जातली. 9 हजार 868 चलें आनी 10 हजार 791 चलयों मेळून 20 हजार 659 विद्यार्थी परिक्षेक बसतले.

Sports – 65

गोवा क्रिकेट असोसिएशनान, पर्वरे जीसीए सभाघरांत, गोवा प्रीमियर डिव्हिजन लीग खातीर पावणी आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तीत पणजी जिमखाना, जिनो स्पोर्ट्स क्लब, साळगांवकार क्रिकेट क्लब, मडगांव क्रिकेट क्लब, चौगुले स्पोर्ट्स क्लब आनी धेंपो क्रिकेट क्लब वांटेकार जातले. 21 मार्च ते 17 एप्रील मेरेन ही सर्त जातली. उंचेल्या पांवड्यार सर्त करपा खातीर, आमच्या प्रतिभाशाली खेळगड्यांक ही सर्त म्हत्वाची माची थारतली, अशें GCA अध्यक्ष महेश देसाय हांणी म्हणलें.

वेदर - 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.4 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25.2 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार